# <u>मुख्यमंत्र्याकडल्यान गोंयच्या लोकांक ईद-उल- फित्रची परबीं</u>

ता. 13 मे 2021

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंयच्या लोकांक आनी खास करून मुस्लीम बांधवांक ईद-उल-फित्र सणाची परबीं भेटयल्या.

मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा, ईद-उल-फित्र परबेन पवित्र रमजान म्हयनो सोपता. ह्या प्रसंगार आमी मानव सेवेखातीर समर्पित जावया आनी मोग आनी विश्वव्यापी भावपणाचो मार्ग आपणावया.

देशांत कोवीड म्हामारीचो प्रसार वाडत आशिल्ल्यान आमी हो सण कोवीड सुरक्षा शिश्टाचारांक पाळो दिवन मनोवया.

ह्या सणातल्यान समाजात सलोखो, शांतीकाय आनी एकजूट वाडिक लागू, अशें मुख्यमंत्री म्हणटा.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/479

Issued by:
Department of Information and Publicity
Government of Goa